**Akashvani Panaji National bulletin 8.40 am 17 april 2025**

**बंदरां, बहुआयामी रसद आनी मैत्री सारकिल्ल्या डिजिटल प्लॅटफॉर्मांची उदरगत करून भारत आधुनीक दर्या क्रांती निर्माण करता हाचेर केंद्रीय बंदर, जहाज आनी उदकामार्ग मंत्री सर्वानंद सोनोवाल हांणी भर दिला. नवी दिल्लींत भारत-मध्य उदेंत युरोप अर्थीक मार्ग (आयएमईसी) परिशद 2025 त उलयताना ताणी म्हळे की आयएमईसी हो जागतीक जोडणींत एक गेम-चेंजर आसा. प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांच्या मेगा-ओशन दृश्टीकोना खाला सरकार भारताक मुळावी बांदावळ, उर्जा आनी डेटा एकठांय करून संवसारीक दर्यावेली शक्त म्हणून स्थापन करता, जी प्रदेशांतल्यान वाड, स्थिरताय आनी सहकार्याक आदार आसा. ह्या परिशदेत उलयतना केंद्रीय वाणिज्य आनी उद्देग मंत्री पीयूष गोयल हांणी सांगलें, की सरकार देशां मदले संबंद घटमूट करतात, जाका लागून तांकां नितीमत्ता आनी समतोल मुक्त वेपार करार स्थापन करपाक मेळटले.**

---

---

**भारताचे मुखेल न्यायाधीश संजीव खन्ना हांणी न्यायमूर्ती बी आर गावई हांच्या नांवाची शिफारस मुखावेले मुखेल न्यायाधीश म्हण केल्या. न्यायमूर्ती गवई हे सर्वोच्च न्यायालयाचे दुसरे वरिश्ठ न्यायाधीश आसून ताचें नांव केंद्रीय कायदो मंत्रालयाक सुचयलां. सध्याचे मुखेल न्यायाधीश, न्यायाधीश खन्ना हांची मुजत फुडल्या म्हयन्याचे 13 तारखेक सोंपता.**

---

---

**रस्तो, येरादारी आनी म्हामार्ग मंत्रालयाच्या सहकार्यान केंद्रीय शिक्षण मंत्रालय रस्तो सुरक्षेच्या मोहीमेचो देशभरांतल्या शाळांनी विस्तार करतले अशे सोशल मिडियाचेर केल्ल्या पोस्टांत शिक्षण मंत्री धर्मेंद्र प्रधान हांणी म्हणला. रस्त्यार जावपी अपघात आनी असुरक्षित वाहन चलोवप हाका लागून संवसारभरात लाखांनी लोकांचो जीव धोक्यांत पडटा अशे ताणी म्हणला. शाळा शिक्षण वेवस्थे वरवीं सुरक्षेची संस्कृताय वाडोवन तशेंच भौशीक कारवाय सुरू करून आनी जबाबदार वाहन चालक वागणुकेंत**

नागरिकांचो सहभाग सुरू करून मंत्रालय रस्त्या सुरक्षेच्या उपायांचेर जागृताय वाडयतलो अशें प्रधान हांणी सांगलें. प्रधान नवी दिल्लींत रस्तो येरादारी आनी म्हामार्ग मंत्री नितीन गडकरी हांचे वांगडा रस्त्याचे सुरक्षेचेर बसकेची सह-अध्यक्षपदार आशीले.

---

2047 वर्सा मेरेन भारताचें पुरायपणान विकसीत राष्ट्रांत रुपांतर करपाच्या भारतीय फुडारपणाच्या निर्धारीत वचनबद्धतेंत उद्देग आनी वेपाराचे खांब म्हत्वाचे सुवातेर आसात अशें लोकसभा अध्यक्ष ओम बिर्ला हाणी  भर दिला.ही राश्ट्रीय आकांक्षा साकार करपा खातीर बिर्ला हाणी  सगळ्या भागधारकांक फकत टिकावू  न्हय, तर समावेशी उदरगतीचें आदर्श आपणावपाचो उलो मारला. काल नवी दिल्लींत पीएचडी चेंबर ऑफ कॉमर्स अँड इंडस्ट्रीच्या 120व्या वर्साच्या सुवाळ्यांत मार्गदर्शन  करतना बिर्ला हाणी  भारत सरकाराचीं 'उदरगती प्रधान धोरणां' आतां उद्देगांक नवी उर्जा दितात अशें सांगले

---

राज्य सरकाराच्या नितळ आनी पाचव्या उर्जेजे  खातीर राष्ट्रीय आनी आंतरराष्ट्रीय गुंतवणूक म्हत्वाची  अशें तेलंगनाचे उपमुखेलमंत्री Mallu Bhatti Vikramarka हानी सांगलां. राज्य सरकारान दोन खाजगी नवीकरणीय उर्जा कंपनीं कडेन 29 हजार कोटी रुपयांचे समन्वय पत्रांचेर स्वाक्षरी  केल्यात. 2030 मेरेन 20 हजार मेगावॅट पाचवी उर्जा तयार करपाच्या राज्य सरकाराच्या व्हडल्या ध्येयाचो हे प्रकल्प एक भाग आसात.हैदराबादांतल्या तेलंगाना इन्स्टिट्यूट ऑफ रुरल डेव्हलपमेंटांत समजिकायेच्या कबलातीचेर स्वाक्षरी करपाच्या कार्यावळींत उलयतना उपमुखेलमंत्री हांणी सांगलें की, राज्यान हालींच नितळ आनी पाचवी उर्जा धोरण सुरू केलां.

---

अमेरिकन उद्योगपती एलोन मस्क हाच्या मालकीच्या उपग्रह इंटरनॅट सेवा कंपनी स्टारलिंकाच्या शिश्टमंडळाची  वाणिज्य आनी उद्देग मंत्री पीयूष गोयल हाणी भेट घेतली. सोशल मिडिया पोस्टांत गोयल हाणी  सांगलें की, बसके वेळार स्टारलिंकाच्या अत्याधुनीक तंत्रज्ञान प्लॅटफॉर्माचेर, ताची सद्याची भागीदारी, आनी भारतांतल्या फुडाराच्या गुंतवणूक येवजणे विशीं चर्चा जाली. स्टारलिंक

शिश्टमंडळांत उपाध्यक्ष चॅड गिब्स आनी वरिश्ठ संचालक रायन गुडनाइट हांचो आस्पाव आशिल्लो.

---

संवसारांतल्या विशिश्ट कुशळ मनीसबळाची गरज भागोवपा खातीर भारतांत कुशळटाय प्रशिक्षण माची स्थापन करपाचो उलो केंद्रीय कामगार आनी रोजगार मंत्री डॉ. मनसुख मांडविया हाणी मारला. नवी दिल्लींत भारत-मध्य उदेंत युरोप अर्थीक मार्ग IMEC परिशद 2025 त उलयताना  सहभागी राश्ट्रांनी भारतीय विद्यापिठांनी प्रशिक्षण अभ्यासक्रम सुरू करूं येता आनी परस्पर कुशळटायेचें प्रमाणपत्र दिवंक शकता अशें तांणी सांगलें. अशा कार्यावळींक लागून तरणाट्यांक नोकरी संदी निर्माण जातलीच पूण भारताच्या व्हड डायस्पोराच्या विस्तारा वरवीं भारताची सॉफ्ट पॉवर वाडटली अशें तांणी मत उक्तायलें. ह्या परिशदेंतल्यान फकत अर्थीक सहकार्या खातीर न्हय तर दायज आनी संस्कृतीक उदरगती खातीरय संद मेळटा अशे ताणी म्हळे.

---

केंद्रीय विज्ञान आनी तंत्रज्ञान मंत्री डॉ.जितेंद्र सिंग हाणी भारतांतल्या पयल्या देशी पद्दतीन विकसीत केल्ल्या हायड्रोजन इंधन सेलार चलपी दर्या जहाजाची तोखणाय करून भौशीक आनी खाजगी क्षेत्रांच्या संयुक्त यत्नांतल्यान  निर्माण जाल्ली यशस्वी कथा अशें म्हणलां. डॉ जितेंद्र सिंग हाणी नवी दिल्लींत ऊचेलया पांवड्यावेली बसका घेतली आनी काउन्सिल ऑफ सायन्टिफिक अँड इंडस्ट्रियल रिसर्च CSIR च्या चालू उपक्रमाचो  आनी कृतीचो नियाळ घेतलो.चर्चे वेळार मंत्र्यांनी CSIR च्या  वैज्ञानिक उपक्रमांक आत्मनिर्भर भारताच्या दृश्टीकोना कडेन जोडपाचें म्हत्व  अधोरेखित केलें. ताणी CSIR न्यू मिलेनियम इंडियन टेक्नॉलॉजी लीडरशिप इनिशिएटिव्ह NMITLI ची तोखणाय केली आनी भौशीक-खाजगी क्षेत्रांतल्या सहकार्यान नवनिर्माणाची ही एक आगळीच देख अशें म्हणले.

---

इटलीची प्रधानमंत्री Giorgia Meloni आयज वॉशिंग्टनांत अमेरिकेचो राष्ट्राध्यक्ष डोनाल्ड ट्रम्प हांची भेट घेवपाची आसा . संवसारभर चालू आशिल्ल्या वेपारी झुजां मदीं ही बसका म्हत्वाची थारतली. इटालियन प्रधानमंत्री वॉशिंग्टन भेटी उपरांत एक दीस फाल्यां रोमांत अमेरिकेचे  उपराष्ट्रपति  जे.डी. व्हॅन्स व्हॅटिकनाचे विदेश

सचीव कार्डिनल पिएत्रो पॅरोलीन हांचीय भेट घेतली .इटली भेटी उपरांत अमेरिकेचे उपराष्ट्राध्यक्ष भारताक भेट दितले आनी ते प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांचे कडेन बसका घेतले.

---

अमेरिकेचे राष्ट्राध्यक्ष डोनाल्ड ट्रम्प हांणी शुल्क आकारिल्ल्यान अंदूं संवसारीक वेपारांत देंवती कळाव जातलो असो अदमास संवसारीक वेपार संघटना wtoन उक्तायला.डब्ल्यूटीओन 2025 आनी 2026 वर्सांचो वेपार अदमास जाहीर करतना अशें सांगलां. संवसारीक माल वेपारांत आनीकय खर उणाव येवंक शकता आनी निर्यात प्रधान उण्या विकसीत देशांक त्रास जावंक शकता.

---

भारतीय हवामान खात्यान आयज राजस्थान आनी गुजरातात जायत्या सुवातींनी खर उश्णतायेची ल्हारां पाटाळपाचो अदमास उक्तायला. तशेंच केरळ, माहे, मध्य महाराष्ट्र, मराठवाडा आनी गुजरात हांगा हवामान खात्यान एकसुरे सुवातीनी उश्ण आनी दमट परिस्थितीचो अदमास उक्तायला. हवामान खात्यान बिहार, आसाम आनी मेघालयात एकसुरे सुवतिनि व्हड प्रमाणांत पावस पडपाचो अदमास उक्तायला.

---